गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो माळो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

वॅबसायट: http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 08 वर्स 2026**

**14.08.2026 दिसा प्रकाशीत केल्या**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 28.08.2026 आसा.**

**फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांची अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 28.09.2026 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

टीप:1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

**बी) ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.

- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकयनासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलो. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाची वॅबसायट नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टीप: जायरातीचे अणकारीत आवृत्तींत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार इंग्लीश प्रत प्रमाणीत मानतले.**

## I. <u>भौशीक भलायकी खातें</u>

<u>गोंय वैजकी महाविद्यालय</u>

<u>प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं</u>

**1.ऍनेस्थेसियोलॉजींत सहाय्यक प्राध्यापक, प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं (Assistant Professor in Anaesthesiology, by Transfer on Deputation) ...... 7 पदां (अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी: मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** केंद्र/राज्य सरकारां/केंद्र शासीत प्रदेश प्रशासना अंतर्गत समान पदां सांबाळपी अधिकारी (प्रतिनियुक्तीचो काळ सादारणपणान तीन वर्सां परस चड आसचो ना).

<u>थेट भरती वरवीं</u>

**2. संबंदीत भलायकी विज्ञान अभ्यासक्रमांच्या ऑक्युपेशनल थॅरपींत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Occupational Therapy in Allied Health Science Courses) ........... 2 पदां (1 - पद अनारक्षीत 1 - ओबीसी)**

**वेतन श्रेणी: मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें** पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान ऑक्युपेशनल थॅरपींत पदव्युत्तर पदवी (ऑक्युपेशनल थॅरपींत विज्ञान पदव्युत्तर पदवी/ मास्टर्स ऑफ ऑक्युपेशनल थॅरपी/ ऑक्युपेशनल थॅरपींत मास्टर्स) (ii) संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सां शिकयिल्ल्याचो अणभव आसूंक जाय. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** (i) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

3. ऍम्ब्रियोलॉजी (Embryologist) ....... 1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी**: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान क्लिनिकल ऍम्ब्रियोलॉजींत पदव्युत्तर पदवीका (उण्यांत उणे चार सेमिस्टर आशिल्लो पूर्ण वेळ अभ्यासक्रम घेवन पदवीधर) तशेंच ह्युमन असिसस्टेड रिप्रोड्कटीव टॅकनॉलॉजी (एआरटी) प्रयोगशाळेंत मनशाचें जननपेशी आनी गर्भ हाताळपाचो अतिरिक्त तीन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

वा

मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान क्लिनिकल ऍम्ब्रियोलॉजीं वा सहाय्यक प्रजनन तंत्रज्ञान वा प्रजनन क्षमते कडेन संबंदीत पीएचडी प्रकल्पांत पूर्ण वेळ पीएचडी केल्ली आसूंक जाय तशेंच ह्युमन असिसस्टेड टॅकनॉलॉजी (एआरटी) प्रयोगशाळेंत मनशाचें जननपेशी आनी गर्भ हाताळपाचो अतिरिक्त एका वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

वा

मॅडीकल पदव्युत्तर वा पशू वैजकी पदव्युत्तर (BVSc) तशेंच क्लिनिकल ऍम्ब्रियोलॉजींत पदव्युत्तर पदवी (मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान पूर्ण वेळ अभ्यासक्रम तशेंच असिसस्टेड रिप्रोडक्टीव टॅकनॉलॉजी (एआरटी) प्रयोगशाळेंत मनशाचें जननपेशी आनी गर्भ हाताळपाचो अतिरिक्त दोन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

वा

जीव विज्ञान वा जैवतंत्रज्ञानांत पव्युत्तर पदवी आनी उण्यांत उणें एक वर्स ऑन सायट पूर्ण वेळ चिकित्सालयीन गर्भशास्त्रांत प्रमाणीत प्रशिक्षण तशेंच नोंदणीकृत असिसस्टेड रिप्रोडक्टीव टॅकनॉलॉजी (एआरटी) लॅवल टू क्लिनिकांत मनशाचें जननपेशी आनी गर्भ हाताळपाचो अतिरीक्त चार वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

4. सहाय्य्क प्राध्यापक (Assistant Professor in:)

(i) प्लास्टिक सर्जरी (**Plastic Surgery**) **......** 1 पद (अनारक्षीत)

(ii) न्युरोलॉजी (**Neurology**) ...... 2 पदां ( 1 अनारक्षीत – 1 ओबीसी)

(iii) न्युरोसर्जरी( Neurosurgery) .......1 पद (अनारक्षीत)

(iv) मॅडीकल ऑन्कोलॉजी (Medical Oncology) ...... 1 पद (अनारक्षीत)

(v) युरोलॉजी- (**Urology**) ..... 2 पदां ( 1 अनारक्षीत – 1 ओबीसी)

(vi) ऍन्डोक्रिनोलॉजी (Endocrinology) ….. 1 पद (ओबीसी)

**वेतन श्रेणी**: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें
**पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.
**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक**: (i) भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो अधिनेम क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो अधिनेम क्र. 102) च्या कलम 13 पोट- कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) राष्ट्रीय वैजकीय आयोग (आदलें भारतीय वैजकीय मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकीय महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकीय महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत (डी.एम)/ मास्टर ऑफ चिरूरजिया (एम.सीएच) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत खासा- विशेशतायेच्या विशयांत उण्यांत उणो 1 वर्स शिकोवपाचो/ संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय.

**टीप: तीन वर्सां कालावधीची डॉक्टर ऑफ मॅडीसीन(डी.एम)/ मास्टर ऑफ चिरूरजियाची (एम.सीएच) पदवी, उमेदवारांक पात्रताय पदवी मेळळ्या उपरांत अणभवाची गरज आसची ना.**

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– (i) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

5. जॅरियस्ट्रीक्स मॅडीसीनांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Geriatrics Medicine) …….. 1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी**: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें
**पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.
**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक**: (i) भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956(1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II ( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) राष्ट्रीय वैजकीय आयोग (आदलें भारतीय वैजकीय मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकीय महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवी घेतल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/शिक्षणीक संस्थेंत व्याख्यातो म्हूण वा तत्सम अध्यापन पदाचेर संबंदीत विशेशतायेंत किमान तीन वर्सां शिकयिल्ल्याचो अणभव आसूंक जाय.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– (i) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

## II.पशु संर्वधन आनी पशु वैजकी सेवा संचालनालय

**पशु वैजकी अधिकारी (Veterinary Officer)** …… **19 पदां (1- एससी, 5 एसटी, 2 ओबीसी, 1 ईडब्ल्युएस, 10 अनारक्षीत) 19 पदांतलीं 1 पद पीडब्ल्युडी खातीर आरक्षीत.**

**( दृश्टीहीन आनी कमी दृश्टी वा भेड्डो आनी आयकुपाची विकलांगताय)**

**टीप: जरी शारिरीक दिव्यांगत्व श्रेणींतले उमेदवार उपलब्ध नासल्यार सामान्य श्रेणींतल्यान तितलींच पदां रिक्त दवरतले.**

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें **पिराय- 45** वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक: (i)** भारतीय पशु चिकित्सा मंडळ अधिनेम 1984 च्या (1984 केंद्रीय अधिनेम 52) पयल्या आनी दुसऱ्या परिशिश्टांत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त पशु चिकित्सेची पात्रताय आनी गोंय राज्य पशु चिकित्सा मंडळांत नोंदणी केल्ली आसूंक जाय.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :– (i)** गोरवां विकास वा कुंकडां पालन विकास वा पशु चिकित्सक दवाखानो चलोवपाचो अणभव (ii) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.